आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या

प्रादेशिक खबरा विभागावरवी

Date :1 3 /03/2025 7.20 pm

मुखेल खबरो

1 फुडल्या 6 म्हयन्याभितर गोंयचो खण वेवसाय पुराय क्षमतेन सुरु जातलो अशे विधान केंद्रिय खण मंत्री जी कीशन रेड्डी हांणी म्हळा .

2 राज्याची संस्कृताय राखून राज्याची सर्वांगीण उदरगत करपी गोंय हे देशातले आदर्श राज्य जावन आसा असे विधान भाजपाचे राष्ट्रीय सरचिटणीस अरुण सिंग हांणी म्हणला

3 एक्स्पोंत १८ ते २० मार्च २०२५ ह्या काळांत मॉस्कोत जावपी क्रोकस एक्स्पोंत गोंय पर्यटन वांटेकार जातले, अशी माहिती पर्यटन मंत्री रोहन खवटे हाणी दिली.

4 गोंय पुलिशेन व्हर्च्युअल माध्यमातल्यान आयज राश्ट्रीय रक्षा विद्यापीठाकडे कबलात केल्या.

5 होळीचे परबे निमतान गोंयचे राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी गोंयच्या लोकांक उर्बेभरीत परबीं दिल्या.

आता पुराय खबरो

फुडल्या 6 म्हयन्याभितर गोंयचो खण वेवसाय पुराय क्षमतेन सुरु जातलो अशे विधान केंद्रिय खण मंत्री जी कीशन रेड्डी हांणी केला. सर्वोच्च न्यायालयान दिल्या निर्देशाप्रमाण राज्यातलो खण वेवसाय सरकार सुरु करतले अशे तांणी सांगले. जाल्यार गोयांत अत्यंत महत्वाचो खनिज साठो आशिल्लो दोन खनिजांचे ब्लोकांचेर फुडल्या काय दिसांनी उत्खनन सुरु जातले अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या. गोंयच्या 12 खनिज ब्लोकांचो सध्या लिलाव जाला, हातुल्ले णव खनिज ब्लोकांचें बेगीनुच कार्यरत जावपाचे आसा अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान दिल्या.केंद्रिय खण मंत्रालयक आनी पर्यावरण मंत्रालयाकडल्यान काय परवाने मेळुक नाशिल्यान उरील्लया तीन ब्लोकांचे काम सुरु जावपाक कळाव लागतलो मात 2025 हे वर्सात गोंयचो खण वेवसाय पुराय क्षमतायेन सुरु जातलो अशे मुखेलमंत्र्यान म्हणला. केंद्रिय खण मंत्री जी. कीशन रेड्डी हे सध्या गोंयात आसाता.

आयज तांणी मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत तशएचं गोंय खण खात्याच्या अधिकाऱ्यावागंडा , गोंयच्या खण वेवसायांचो नियाळ घेतलो

राज्याची संस्कृताय जपुन राज्याची सर्वांगीण उदरगत करपी गोंय हे देशातले आदर्श राज्य जावन आसा असे विधान भारतीय जनता पार्टीचे राष्ट्रीय सरचिटणीस अरुण सिंग हांणी म्हणला. फाटल्या 10 वर्सांचो नियाळ घेत जाल्यार प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या भाजपाच्य सराकरान गोंयांक चडानचड निधी गोंयच्या उदरगतीक मुखार व्हेला, हे कॉग्रेसीक गोंयात तांचे सरकार आसतना मात करपाक जाले ना अशें अरुण सिंग हांणी म्हणला. ते पणजे भाजप मुख्यालयात घेतिल्लया पत्रकार परीशदेत उलयताले. हयावेळार गोंय भाजप प्रदेश अध्यक्ष दामोदर नायक,तशेंच राज्यसभेचे खासदार सदानंद शेट तानावडे हाजीर आशिल्ले.

अरुण सिंग हे काल आनी आयज अशे दोन दिस गंय भेटीचेर आशिलले. हयेळार तांणी पक्षाच्या कार्यकत्यांवांगडा बसका घेवन तांका मार्दर्शन केले,तशेच संटनात्मक घटमुटतायेखातीर किते करपचे ताचे विशी आदेश दिल्यात अशी म्हायती गोंय भाजप प्रदेशाध्यक्ष दामोदर नायक हांणी दिला.

मॉस्कोच्या क्रोकस एक्स्पोंत १८ ते २० मार्च २०२५ ह्या काळांत जावपी आनी रशियेच्या मुखेल प्रवासी वेपार प्रदर्शनां मदले एक आशिल्लें मॉस्को इंटरनॅशनल ट्रॅव्हल अँड टुरिझम एक्झिबिशन (एमआयटीटी) २०२५त गोंय पर्यटन वांटेकार जातले, अशी माहिती पर्यटन मंत्री रोहन खवटे हाणी दिली.

एक लोकप्रीय थळ म्हणून, गोंय राज्य आपल्या दोलायमान संस्कृतीन आनी विवीध अणभवां सयत अभ्यागतांक आकर्शी करता. एमआयटीटी २०२५त आपले हजेरेंतल्यान, रशियन प्रवासी उद्देगा कडेन संबंध घटमूट करप, शाश्वत आनी पुनरुत्पादक पर्यटन चालीक लावप आनी राज्याचें समृद्ध दायज, योग आनी वेलनेस पर्यटन, साहसी पर्यटन आनी जेवणाचें प्रदर्शन करप, हो गोंय पर्यटनाचो हेत. एमआयटीटींतल्या गोंय पर्यटनाचें दालन हें राज्याचें आकर्शण, हांगच्या शांत बॅकवॉटर पर्यटन, पांचव्या पर्यटनाचे उपक्रम आनी येवपी उत्सव ठळकपणान सादर करतले.

गोंयचे पर्यटन मंत्री, रोहन खंवटे हांणी, एमआयटीटी मॉस्को हें प्रदर्शन आमचे खातीर रशियन प्रेक्षकां वांगडा बरे संबंद वाडोवपाची आनी दर्यादेगांच्या पलतडचें एक गंतव्यस्थान म्हणून गोंयचें आकर्शण वाडोवपाची एक बरी संद दिता. गोंय फकत 'सन अँन्ड सॅण्ड' न्हय - जाल्यार गोंय हें संस्कृती, वेलनेस, धिटाय आनी शाश्वत पर्यटनाचो दोलायमान असो अणभव. आमी आमच्या पर्यटन सेवांचो विस्तार करतना, रशियन

प्रवाशांक गोंयचें दायज, सैमा खाला प्रदेश आनी अविस्मरणीय उगडासांचें वचन दिवपी विसर्जीत अणभव घेवपाक येवकारतात.

गोंयचे पर्यटन संचालक केदार नायक हांणी, सांगले.

गोंय पर्यटन, एमआयटीटी मॉस्कोचे फाटभूंयेर १७ मार्च २०२५ दिसा रशियांतल्या येकातेरिनबर्ग हांगा एक विशेश रोड शो आयोजीत करतलो. ह्या उपक्रमाचो हेतू, रशियन प्रवासी उद्देगांतल्या मुखेल भागधारकां कडेन सरळ संपर्क करप, गोंयच्यो नव्यो नव्यो पर्यटन सेवा, शाश्वत प्रवास उपक्रम आनी येवपी कार्यावळीं विशीं अंतर्दृष्टी दिवप हो आसा.

गोंय पुलिशेन व्हर्च्युअल माध्यमातल्यान आयज राश्ट्रीय रक्षा विद्यापीठाकडे कबलात केल्या.पुलीस महासंचालक ओमवीर सिंग हांच्या आनी राश्ट्रीय रक्षा विद्यापीठाचे कुलगुरू प्रा.डॉ.बिमल एन पटेल हांणी ही कबलात सायन केल्या

सुरक्षा आनी संशोधन, नवनिर्माण, प्रशिक्षण आनी ऑनलायन शिक्षणाच्या मळार नवनिर्माणांक प्रोत्साहन दिवपाच्या हेतान राष्ट्रीय रक्षा विद्यापिठाच्या गोंय पुलिशेन ही कबलात केल्या

पुलीसांची सेवा आनीक सक्षम आनी प्रभावी करुन आधुनीक कायद्याची अंमलबजावणी खर पणान जावपाच्या हेतान ही कबलात महत्वाची आसा.

गोंयचे राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी होळीच्या रंगयाळ्या प्रसंगार गोंयच्या लोकांक काळजासावन उर्बेभरीत परबीं भेटयल्या.

राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, होळी हो रंगांचो उत्सव आनी तो देशभर मनयतात. हो उमेदीचो आनी खुशालकायेचो उत्सव आसा. ह्या उत्सवाचे खाशेलपण म्हळ्यार हो उत्सव मनयतना दर एक जण इश्टागत आनी भावपणाचो संदेश पातळायता. हो एक म्हत्वाचो उत्सव, जो वसंत ऋतू मोसमाचे आगमन आनी सद्गुणांनी वायट प्रवृत्तीचेर मेळयिल्ल्या जैताचे प्रतिक आसा.

होळी सणाच्या उमेदीच्या प्रसंगार हांव प्रत्येकाक आपलेपणाचे नातें, परस्पर समजीकाय, समाजीक अखंडताय आनी राष्ट्रीय एकात्मता वाडोवपाचो उलो मारता.

हो रंगांचो उत्सव गोंयच्या लोकांक शांतिकाय, भरभराट आनी उमेद घेवन येव, अशें राज्यपाल म्हणटा.

गोंयचे राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी मूळ इंग्लिशींत बरयिल्ल्या 'ओ मिझोरम' ह्या कविता संग्रहाच्या कोंकणी संकलनाचे प्रकाशन आयज राजभवनार जाले. कोची केरळचे ज्येश्ठ कोंकणी लेखक श्री. आर. भास्कर हांणी अनुवादित केल्ल्या कोंकणी आवृत्तीचे प्रकाशन राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांचे हस्तुकीं जालें.

ज्येश्ठ पत्रकार श्री. पाचू मेनन, संजना प्रकाशनाचे मालक श्री. दिनेश मणेरकर, अनुवादक श्री. आर. एस. भास्कर, राज्यपालांचे सचिव श्री. एम. आर. एम. राव, आयएएस आनी हेर मानेस्त ह्या वेळार उपस्थितीत आशिल्लें.

ह्या वेळार उलयतना राज्यपालान सांगलें, "भाशांतराक लागून भाशांच्या अडथळ्यां बगर साहित्य कलाकृती वेगवेगळ्या भाशीक लोकांकडेन पावपाक मजत जाता. राजभवनाच्या "नई पहल" येवजणेक लागून नवोदीत लेखकांक बरोवपाक उर्बा मेळटा. साहित्या वरवीं संस्कृती आनी इतिहासाची देवाणघेवाण जाता, अशेंय राज्यपालान सांगलें.

ज्येश्ठ पत्रकार श्री. पाचू मेनन हांणी भाशांतराचे म्हत्व सांगतना भाशांतराक लागून साहित्य संवसारा मुखार येवपाक मजत जाता, अशें सांगलें.

राज्यपालांचे सचिव श्री. एम. आर. एम. राव हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो.

कार्यक्रमाक ज्ञानपीठ पुरस्कार जैतिवंत दामोदर मावजो, श्रीमती माया खरंगटे, श्रीमती नमन धावस्कर, बाबनी मापारी आनी राजभवनाचे अधिकारी उपस्थित आशिल्लें.

अनंत अग्नी हांणी कार्यावळीचें सुत्रसंचालन केले.

राज्य शिक्षण प्रशिक्षण आनी संशोधन संस्थेन राज्यातल्या वेंचीक शाळा मुखेल्यां खातीर घडोवन हाडिल्या ४ दिसांच्या शिक्षणीक कार्यशाळेचो आयज परवरे समारोप जालो. उच्च शिक्षण संचालनालयाच्या परिशद घरान ' संवसारीक नागरीकत्व आनी तिगून उरपी उदरगती खातीर शिक्षण ' ह्या विशयाचेर फाटले ४ दीस ही कार्यशाळा चालू आशिल्ली. समारोप सुवाळ्याक एस. सी. ई. आर. टी. च्यो संचालक मेघना शेटगांवकर आनी प्रशासन संचालक सरिता गाडगीळ हाजीर आशिल्यो. राष्ट्रीय शिक्षण धोरण चालीक लावपी राज्य म्हूण , गोंय राज्य बरेंच मुखार पावलां आनी हांतूत शाळांच्या मुखेल्यांचो म्हत्वाचो वांटो आसा अशें मुखेल सोयऱ्यो मेघना शेटगांवकर हांणी सांगलें. सगळ्यो कार्यशाळा सुरळीत जावंच्यो म्हूण गोंय शालांत मंडळ , शिक्षण संचालनालय , समग्र शिक्षा विभाग आनी एस. सी. ई. आर. टी. अश्यो सगळ्यो संस्था समन्वय राखून कार्यशाळां खातीरची वेळापत्रकां आता जारी करतले अशेंय शेटगांवकर हांणी सांगले. कार्यशाळेचे संचालक गोविंदराज देसाई हांणी समारोप कार्यावळींचे संचालन केलें. राज्यातल्या माध्यमिक आनी उच्च माध्यमिक शाळांतले ३० प्राचार्य ह्या कार्यशाळेक हजर अशिल्ले.

रिवण गावातलो आगळो वेगळो ‘रामाचो मेळ’

मडगाव: गोंयांत वेगवेगळ्या सुवातींनी वेगवेगळे तरेन शिगम्याचे मेळ खेळतात. प्रत्येक मेळाची आपली एक खासियत अासता. सांगे तालुक्यात आस्पावपी रिवण ह्या गांवांतय ‘रामाचो मेळ’ नावाचो खासा शिगमो खेळतात. आयज ह्या शिगम्याची निमाणी रात आसून राती उसरां होळी पेटोवन ह्या शिगम्याची सांगता जातली. ह्या शिगम्याचे खाशेलेपण म्हणजे, इतिहासिक नाटकांत जशे जरीचे पोशाख आसतात तसलेच पोशाख घालून ल्हान भुरगे प्रत्येकाच्या आंगणात वचून हो मेळ खेळटात. ह्या मेळाक जायतीं वर्सांची परंपरा अासा अशी म्हायती रिवणचे एक ज्येश्ठ नागरीक अजय नायक हांणी दिली.

रिवणचो हो शिगमो नमीक सावन सुरु जाता. गावच्या विमलेश्वर देवळात वचून कौल घेवन हो शिगमो आमी सुरु करतात अशी म्हायती नायक हांणी दिली. उपरांत फुडले चार दिस गांवांनी ह्या शिगम्याचो मेळ नाचतात. आयज ह्या शिगम्याचो निमाणो दिस आसून राती होळी पेटयले उपरांत हो शिगमो सोंपतलो अशी म्हायती तांणी दिली. सध्याक ह्या शिगम्याक लागून रिवण गावात एक वेगळेच वातावरण निर्माण जाल्ले आसा.

आय एमडी 100

बुधवारा पणजेंत चडांत चड तापमान 36.8 अंश आनी मुरगांवां 36.6 अंश नोंद जाल्लें. आयज (13 मार्च) राज्यांतलें हवामान उश्ण आनी दमट उरतलें असो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला. ते प्रमाण आयज येलो उश्णतायेची शिटकावणी दिल्या. फुडले स दीस राज्यांत चडांत चड तापमान 35 ते 37 अंश सेल्सियस मदीं उरपाची शक्यताय आसा. मंगळारा राज्यांतल्या चडशा वाठारांनी खर उश्णताय आसली.

इतल्यान हयो प्रादेशिक खबरो सोपल्या आकाशवाणी पणजीचे मुखावेले प्रादेशिक खबरापत्र तुमका आयकुक मेळटले फाल्या सकाळी सात जावण 25 मिंनटाचेर